<u>राष्ट्रीय खबरो</u>

१८.०५.२०२६ ६.३० pm

<u>मोदी 90</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज स्विडनाची आपली दोन दिसांची भोंवडी सोपोवन नॉर्वेक गेल्यात. स्वीडनातल्या भेटींचेजायते म्हत्वाचे परिणाम जाल्यात, जाका लागून द्विपक्षीय संबंदांक नवी चालना मेळटली अशें मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें. ह्या भेटी वेळार जाल्ली चर्चा खूब फळादीक जाली-द्विपक्षीय संबंद ‘धोरणात्मक भागीदारी’ पातळे मेरेन व्हरपा सावन, ‘संयुक्त नवनिर्माण भागीदारी 2.0’ आनी ‘भारत-स्वीडन तंत्रज्ञान आनी कृत्रीम बुद्धिमत्ता मार्ग’ सुरू करपा मेरेन, फुडल्या पांच वर्सांत द्विपक्षीय वेपार दुप्पट करपाचें महत्वाकांक्षी लक्ष्य थारावपा मेरेन चर्चा जाली अशे ताणी सांगले. तानी स्वीडनच्या लोकांचो, स्वीडन सरकाराचो आनी प्रधानमंत्री उल्फ क्रिस्टर्सन हांचे तांणी आपल्याक दाखयल्ल्या आपुलकी खातीर आनी इश्टागती खातीर उपकार मानले.

<u>गोयल 140</u>

जागतिक आव्हानां आणि अनिश्चितता असूनय भारत वेगान प्रगती करता अशे केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी म्हणला नवी दिल्लीत 'भारत व्यापार महोत्सवा'च्या वेबसाइटचे उद्घाटन करताना ते उलयताले. उमेद केनाच उणी करुक दिवची न्हय आनी सगळ्यांनी अथक काम करत रावचे हाचेर ताणी भर दिलो. 'विकसित भारत २०४७' चे ध्येय साध्य करपाच्या दिशेन भारतातले उद्योग, व्यापारी समुदाय आणि लोकांमदी इतलो प्रबळ उत्साह आसा की जगातली खंयचीच शक्त भारताक थांबोवंक शकना अशे ताणी म्हळे. Byte
भारताची अर्थव्यवस्था स्थिरपणान वाडटा आणि निर्यातय वाडटा. या वर्सा निर्यात अंदाजे ८६३ अब्ज डॉलर्सचेर पावल्या जी फाटल्या वरसाच्या तुलनेत जवळपास पाच टक्क्यांनी चड आसा अशे सांगुन, चालू आर्थिक वरसा खातीर भारताचे एकत्रित लक्ष्य एक ट्रिलियन डॉलर्सची निर्यात साध्य करप आसा अशे ते उलयले. गोयल यांनी अधोरेखित केले की, स्वदेशी व्यापाराक प्रोत्साहन दिवप आणि भारतीय वस्तू आनी सेवांचा देशभरात आणि जगभरात अधिक वेगानविस्तार सुनिश्चित करप हा 'भारत व्यापार महोत्सवा'चा उद्देश आसा.

नड्डा 110

केंद्रीय भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा यांनी स्वित्झर्लंडात जिनिव्हात आयोजित ७९ व्या जागतिक भलायकी परिषदेच्या निमित्तान जागतिक भलायकी संघटनेचे महासंचालक डॉ. टेड्रोस अधानोम गेब्रेयस हाची भेट घेतली. भलायकी मंत्रालयान एका सोशल मीडिया पोस्टात म्हणला की, नड्डा यांनी जागतिक भलायकेच्या समानतेच्या प्रगती खातीर भारताच्या वचनबद्धतेचा पुनरुच्चार केलो आणि आयुष्मान भारत डिजिटल मिशन, आयुष्मान भलायकी मंदिरा, पारंपरिक औषधोपचार, एआय-आधारित भौशीक भलायकी नवोपक्रम आणि क्षयरोग निर्मूलना खातीर सातत्यपूर्ण प्रयत्न यांसारख्या प्रमुख उपक्रमांचेर उजवाड घालो . मंत्र्यांनी 'जगाची वखद शाळा' म्हणून देशाच्या भूमिकेचेरूय भर दिलो. या बसके वेळार, जागतिक भलायकी संघटनेच्या महासंचालकांनी भारताच्या भलायकी क्षेत्रातली सुधारणा आणि जागतिक भलायकी भागीदारीतल्या फुडारपणाची तोखणाय केली आणि सामायिक प्राधान्यक्रमांचेर जागतिक भलायकी संघटने वांगडा सहकार्य अधिक घटट करण्याची वचनबद्धता व्यक्त केली.

राजनाथ 60

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज व्हिएतनाम आनी दक्षिण कोरिया ह्या दोन राश्ट्रांच्या भेटी खातीर भायर सरले. धोरणात्मक लश्करी सहकार खोलायेन वाडोवप, संरक्षण उद्देगीक भागीदारी घटमूट करप आनी भारत-पॅसिफीक वाठारांत दर्या सहकार्याक चालना दिवप हें ह्या भेटीचें मुखेल लक्ष आसतलें अशें तांणी फुडें सांगलें. व्हिएतनाम भेटी वेळार राजनाथ सिंग व्हिएतनामाचे राश्ट्रीय संरक्षण मंत्री जनरल फॅन व्हॅन गियांग हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले.

स्पोर्ट्स 30

गांधीनगरांत जाल्ल्या ‘आशियाई वेटलिफ्टिंग अजिंक्यपद सरत 2026’ सर्तींत भारतान 10 पदकां मेळोवन हातुंत एक रुप्या आनी णव कांस्य पदकां सयत आपली मोहीम सोंपयली.

Announcement – 100

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश- कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.आवाज आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा १ जून 2026.

हवामान 50

भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण ह्या सप्तकांत वायव्य भारत आनी मध्य भारतांत कितलेशेच दीस ‘उश्णतायेचे ल्हार’ ते ‘खर उश्णतायेचे ल्हार’ अशी परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. देशाच्या वायव्य भागांतल्या जायत्या वाठारांनी चडांत चड तापमान ल्हव ल्हव 3 ते 5 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा असोय अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.